भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# शेतकार आनी बीज



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- M. Maillot; Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- E. Frischbutter; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

एक दीस जेजून तळयाचे कुशीक शिकयलें. ताचें आयकुपाक जायते लोक जमले.

गर्दी चड जाली.
जेजू कितें करतलो?



लागीं एक तारु पळोवन, जेजू ताचेर चडलो. आतां ताका लोकांक पळोवंक मेळटालें आनी तांकां तो पळोवंक आनी आयकूंक मेळटालो.



जेजून बोधकथा सांगपाक सुरवात केली – सादारण गजालीं विशीं कथा, जी लोकांक देवा विशीं शिकयताली.



“एक शेतकार आपल्या शेतांत बीं शिंपडटा.” जेजूची काणी उतरां आशिल्ल्या चित्रा सारकी आशिल्ली.



लोकांक शेतकार काम करतना दिसतालें –
तांणी तें जायते फावटीं पळयल्लें.




शिंपडिल्लें कांय बीं एका
पांयमार्गाचेर पडलें. स्वूश!
तांकां खावपाक सुकणीं बेगीन
सकयल आयलीं.

शेताच्या फातराच्या भागांचेर कांय बीं पडलें. तांची वाड रोखडीच वनस्पत जाली. मातयेंत मुळां रोवंक मेळनाशिल्ल्यान उश्ण सुर्यान तांकां रोखडेंच सुकयले.



हेर बींयान कांट्यांमदीं मुळां घाल्लीं. तातूंतल्यान धान्य तयार जावंक नाशिल्लें. कांटे तरणाट्या वनस्पतीं भोंवतणी गर्दी करून गरजेचो सुर्याचो उजवाड आनी पावस आडायलो.



उरिल्लें बीं बऱ्या जमनीचेर पडलें. जसो जसो काळ वतालो तसो तसो अंकुर निरोगी वनस्पत जावन भरपूर नवे कडुण मेळ्ळे. शेतकार खूब खोशी जाल्लो आसूंक जाय.



काणयेच्या शेवटाक शिश्य जेजू कडेन आयले. “तुमी बोधकथ्यांनी कित्याक शिकयतात?” तांणी विचारलें.



जेजून म्हणलें, बोधकथा लोकांक देवाचो खरो मोग आसल्यार तांकां देवा विशीं समजून घेवंक मदत करतात. देवाचो मोग करिनाशिल्ल्या लोकांक बोधकथा समजूंक मेळनात.




जेजून बोधकथा स्पश्ट केली. ताणें सांगलें
कीं बीं देवाचें उतर. पांयतणां वयल्यान बीं
म्हणल्यार कोणेंय देवाचें उतर आयकता पूण समजना.
सैतान तांकां
देवान सांगिल्लें
विसरयता.

कांय जाणांक देवाचें उतर बेगीन मेळटा. ते
फातराच्या मातयेवयल्या बियांभशेन आसतात.
पूण कोण तरी तांची फकाणां करता वा देवाचो
मोग करता म्हणून गजाली कठीण करता
म्हणसर एक दुख्खाची गजाल घडटा.



जेजूच्या फाटल्यान खोशीन वचपाक लागले हेच लोक पयस वळून देवाचें उतर पाळप बंद करतात. देवा फाटल्यान वचपाचें मोल तांकां फारीक करपाक जायना. तांकां देवा परस इश्टांक खोशी करपाची इत्सा आसूंक जाय हें कितलें दुख्खाचें!



बोधकथांतले कांटे
संवसारीक चिंतना
आनी पयशांचो मोग कांय
जाणांच्या जिवितांत
भरता. चड पयशे
आनी हेर गजाली
मेळोवपाच्या यत्नांत ते
इतले व्यस्त आसतात
की ते देवाक आपल्या
जिवितांतल्यान
भायर सोडटात.



पूण बऱ्या मातयेर पडून बरी पिकावळ दिवपी बीं काळजांत भितर सरून लोकांचें जिवीत बदलपी देवाचें उतरा सारकें. हे लोक देवाची सेवा करतात आनी मान दितात.



लोकांक सोडून वचपाची इत्सा नाशिल्ली. जायत्या जाणांक देवा फाटल्यान वचपाची आनी ताका खोशी करपाची इत्सा आशिल्ली. जेजूच्या बोधकथ्यांनी तांकां देवाचें आज्ञापालन कशें करचें तें समजूंक आदार केलो.



शेतकार आनी बीज

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

मॅथ्यू १ ३

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16